# **Akashvani Panaji Regional news 7.25 am 14th September 2025**

गणेश

पिडीतांचो त्रास उणो जावपा सयत गुन्यावकारय सुटपाक जाय ना तर पुलीस, अभियोक्ते आनी हेर संबंधीतांमदी समन्वय आसपाक जाय. समन्वय नासलो जाल्यार गुन्यावकार सुटतात, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. चवकशी वा तपास योग्य तरेन जावन गुन्यावकार सुटपाक जाय ना, म्हूण कायद्याविशी प्रशीक्षण दिवप गरजेचे थारता, अशेंय तांणी म्हणले. तीन नव्या कायद्याविशी पुलीस, अभियोक्ते आनी फॉरेन्सीक अधिकाऱ्यांक प्रशीक्षण दिवपी कार्यावळ जाली. तीनूय खात्याच्या मेळून 65 अधिकाऱ्यांक प्रशीक्षण दिले. आल्तिनो पणजी हांगा जाल्ले कार्यावळीच्या समारोपाक मुखेल सोयरे म्हूण मुखेलमंत्री हाजीर आशिल्ले.

--------------------------------------------

रश्मी

आधुनीकतेक आपणायत पारदर्शक न्याय वेवस्था आनी गोंय खातीर योग्य, कार्यक्षम पुलीस दळ उबारखातीर गोंय सरकार आनी गृह खाते सदाच कार्यरत आसता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा. पुलिशेत घटमुट भलायकी आशिल्ले पुलिसुच समाजाक बरी सेवा दिंवक शकतात अशे ह्यावार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

सरकारान सुरू केल्यो वस्तू आणि सेवा कर सुधारणा २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी करपाक सज्ज आसात. हेच फाटभुयेर मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हाणी आकाशवाणी पणजी केन्द्राक भेट दिवन गोय आणि गोयकारक जावपी फायदो आणि अधिक माहिती जाणून घेवपाक आकाशवाणीच्या खबरा विभागाक खाशेली

मुलाखत दीली. सुधारित GST चो फायदो सर्व सामान्य मन्शाक नक्कीच 100 टक्के जातलो.लक्झरी वस्तू पासून चारचाकी ते दुचाकी, साधे हॉटेल ते समान्य पाव घेवपाक लेगीत जातलो अशे मुखेल्मंत्री उलयले. Byte

ह्याच मुलाखतीचो दुसरो भाग  आकाशवाणी पणजेच्या म्हादय आनी FM चेन्लावेल्यान फाल्या सकाळी साडेसात वरांचेर प्रसारित जातलो.

------------------------------------------

डेस्क

पंजाबातल्या हुंवारग्रस्तांक आवश्यक मदत साहित्य पावयल्याबद्दल गोयातल्या वास्को आणि फोंणेच्या शीख समुदायान महालक्ष्मी अल्तिन हांगा आमदार दाजी सालकराच्या उपस्थितीत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांचे उपकार मानले. समुदायाचे फुडारी  जसवंत सिंग भाटी यांनी शीख समुदायाच्या सदस्यांसयत विविधतेत एकतेची भावना अधोरेखित करत कृतज्ञता उक्तायली आणि आशीर्वाद दिले.

श्रीपाद

भारत हरित हायड्रोजन नवोपक्रमाचे जागतिक केंद्र म्हणून उदेपाक  सज्ज आसा अशे केंद्रीय नवीन आणि नवीकरणीय ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद येसो नाईक  हाणी विश्वास व्यक्त केला. काल नवी दिल्लीत जाल्या दोन दिसांच्या पयल्या हरित हायड्रोजन संशोधन आणि विकास परिषदेच्या समारोप सत्रात उलयाना  मंत्रयानी हे सांगले. हरित हायड्रोजनचे महत्त्व अधोरेखित करताना, नाईक हाणी म्हणले की, हे इंधन सगळ्यात कठीण क्षेत्रांक कार्बनमुक्त करण्याचे, नवीन व्यापार सीमा उघडपाचे आणि स्वच्छ

आणि सुरक्षित भविष्य निर्माण करपाचे उतर दिता. भारतान २०७० मेरेन निव्वळ शून्य उत्सर्जन साध्य करपाच्या प्रवासाक सुरुवात केल्या हे परत सांगताना, नाईक हाणी म्हणले की, राष्ट्रीय हरित हायड्रोजन मोहिमे वरवी भारत हायड्रोजन तंत्रज्ञानातले नवोपक्रम, उत्पादन आणि तैनातीखातीर जागतिक केंद्र म्हणून उदेतलो

--------------------------------------------

GST

स्वातंत्र्य दिसा लाल किल्ल्याच्या तटबंदीवेल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी next generation जीएसटी सुदारणांची घोशणा केली. ह्या म्हयन्याचे 3 तारखेक जीएसटी काउन्सिलान कितल्याशाच क्षेत्रांत कर दर उणे करून नागरिकांचें जिवीत सोंपें करपा खातीर सपन पुराय केलें. ह्या जीएसटी सुदारणांक लागून सरकारान गरजेच्या खाद्यपदार्थांचेर आनी स्थिर उत्पादनांचेर कर उणो करून नागरिकांक व्हड थाकाय दिल्या. सरकारान पयलींच्या 12 टक्के आनी 18 टक्के स्लॅबांतल्यान कर दर 5 टक्के आनी शून्य केला. चीज, बिस्किट, चॉकलेटी सयत उत्पादनां 5 टक्के जीएसटी खाला हाडल्यात.

--------------------------------------------

स्पोर्ट्स

गोयच्या बायला पंगडान राजमाता करंडक राष्ट्रीय जेष्ठ फुटबॉल सर्तीत सलग दुसरया जैताची नोंद करताना मध्य प्रदेशाचेर दणदणीत जैत जोडले. गोयात खेळ फातोर्डा आनी बांबोळी स्टेडियमाचेर जातले.

--------------------------------------------

हवामान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चदांत चढ तापमान 29 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणें तापमान 24 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

-------------------------------------------